# **कोविड – 19 च्या सर्वेक्षणा खातीर प्रस्नावली**

12 एप्रील 2020

चैत्र 12, 1941

गोंय सरकारान पूराय राज्यांत आयएलआयची (इन्फूएन्झा सारकें दुयेंत) लक्षणां सोदपा खातीर घरा घरांनी सर्वेक्षण करपाचें थारायला. हे खातीर बीएलओ, प्राथमीक/माध्यमीक शाळेंतले शिक्षक, अंगणवाडी सेविका आनी मिटर रिडर/ ग्राम सेवक/ अबकारी गार्ड हांचो समावेश आशिल्ल्या चार सदस्यांचे पथक तयार केला. हे पथक 13 ते 15 एप्रील 2020 मेरेन प्रत्येक घरांतले आयएलआयच्या लक्षणां विशीचो तपशील एकठांय करतले आनी मोबायल ऍपा वरवीं तपशील संकलन आनी मॅपींग करतले.

सर्वेक्षणा वेळार विचारिल्ले प्रस्न ह्या प्रमाणें आसतले म्हळ्यार वाडो/वार्डाचें नांव, घरांतल्या मुखेल्याचें नांव आनी फोन क्रमांक, भलायके संबंदीत प्रस्न जशे की कोणाक जोर आसा, खोकले वांगडाच फ्लू सारकी लक्षणां दिसता वा घरांतल्या कोणांक स्वास घेवपाक त्रास जाता वा वयर दिल्ली अशी खंयचीय लक्षणां आशिल्ली घरांतली खंयचीय व्यक्ती हेर व्यक्तीच्या संपर्कांत आयल्या, जर 15 फेब्रुवारी 2020 उपरांत कुटुंबातली कोणूय व्यक्ती गोंयांत आयल्या वा कुटुंबातली कोणूय व्यक्ती 15 फेब्रवारी 2020 उपरांत गोंया भायल्यान आयिल्ली हेर व्यक्तीच्या संपर्कांत आयल्या जाल्यार.

ह्या सर्वेक्षणा वेळार जर एखाद्र्या कुटुंबातल्या व्यक्तीक डायबिटीज, काळजाचें दुयेंत, उच्च रक्तदाब, मुत्रपिंडाचे विकार वा फुफुत्साचें दुयेंत आसा जाल्यार ताचो तपशील घेतले. कुटुंबातल्या मुखेल सदस्या वांगडाच हेर कुटुंबातल्या व्यक्तींच्या पिरायेचो तपशीलूय घेतले.

कोविड-19 चेर आळाबंदी हाडपा खातीर वैध तपशील एकठांय करपाक लोकांनी ह्या पथकाक सहकार्य करचें अशी विनवणी.

DI/NB/JA/KM/JS/SN/2020/1836

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA